# छत्रपती शिवाजी महाराज जयंती निमतान नाट्य प्रवेश आनी प्रस्नमंजूशा सर्त

ता. 3 फेब्रुवारी 2020

वर्सुकीं छत्रपती शिवाजी महाराज जयंती सुवाळो ता. 19 फेब्रुवारी 2020 दिसा मनोवपात येतलो. राज्य पांवड्यावयलो मुखेल सुवाळो फर्मागुडी-फोंडा हांगाच्या श्री गणपती देवस्थानच्या प्राकारात जातलो.

छत्रपती शिवाजी महाराज जयंती निमतान राज्य सरकाराच्या म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यावतीन छत्रपती शिवाजी महाराजांच्या जीणेचेर हायस्कुल आनी उच्च माध्यमिक विद्यार्थ्यांखातीर अखिल गोंय नाट्य प्रवेश सर्त आनी आंतर महाविद्यालयीन प्रस्नमंजूशा सर्तीचे आयोजन करपात येतले.

नाट्य प्रवेश सर्तीत सादरीकरणाखातीर चडात चड 10 मिनटाचो वेळ मेळटलो. ह्या सर्तीत वाटो घेवपी शाळांच्या जैतवंत पंगडांक पयले 10 हजार, दुसरे 7 हजार आनी तीसरे 5 हजार रूपया अशी तीन रोख इनामां आनी प्रशस्तीपत्र भेटयतले.

आंतर महाविद्यालयीन प्रस्नमंजूशा सर्तीच्या जैतवंतांक पयले रोख 3 हजार, दुसरे 2 हजार आनी तीसरे 1 हजार रूपया आनी प्रशस्तीपत्र भेटयतले. तशेंच दोन उमेद वाडोवपी इनामां भेटयतले.

नाट्य प्रवेश सर्त आनी आंतर महाविद्यालयीन प्रस्नमंजूशा सर्तीत वाटो घेवपाक इत्सुक आशिल्ल्यांनी आपल्यो प्रवेशीकां ता. 14 फेब्रुवारी 2020 पयली म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्याच्या कार्यालयात सुपूर्द करपाक जाय.

चड म्हायती खातीर श्री. श्याम गांवकार, मो. नं. 9422444624 हांचे कडेन संपर्क करचो.

म्हा /सप/ जाँआ/ विगां/ 2020/94